# <u>मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तकाचे उक्तावण</u>

ता. 5 फेब्रूवारी 2018

16 माघ 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज येरादारी खात्यान आयोजित कार्यक्रमात 8व्या राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तकाचे उक्तावण केले.

हयावेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान रस्त्यांचेर येरादारीचे नेम मोडप्यांआड येरादारी विभागाच्या अधिका-यांनी योग्य कारवाय करून नेम मोडिल्लेखातीर तालांव दिवपाक सांगले. रस्त्यावयल्या अपघातांक लागून अपघाताक सापडपी व्यक्तीच्या कुटुंबाचे लुकसाण जाता. जाग्रृत नागरीकांनी रस्त्याचेर येरादारीचे नेम मोडप्याक समजावचे वा येरादारी पुलीसांक कळोवचे, अशेंय तांणी सांगले.

येरादारीमंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी रस्तो सुरक्षा जाग्रृती न्हय फकत सप्तकाखातीर जाल्यार वर्सभर करपाची गरज आसा अशें सांगले.  आयज तरणाटी पिळगी रस्त्यांचेर मेळत तशी वाहनां चलयतान आपल्या स्वतःवांगडाच दुस-यांकय त्रासात घालतात, तेखातीर तरणाटयांनी रस्त्यावयले नेम पाळपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

येरादारी खात्याचे संचालक श्री. निखिल देसाय हांणी येरादारीचे नेम मोडप्यांआड कारवाय करून रस्त्याचेर शिस्त हाडपाखातीर खात्यावतीन चालू आशिल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिली.

पालवी संचालक श्री. संदीप देसाय आनी श्री. नंदकिशोर आरोलकर हांचो हयावेळार सन्मान केलो. श्री. संदीप देसाय हांणी रस्तो सुरक्षा उपायांविशी म्हायती दिली. कार्यक्रमाक उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन, पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर, महापौर श्री. सुरेंद्र फुर्तादो आनी हेर अधिकारी हाजिर आशिल्ले.